# येरादारीचे नेम मोडप्यांचे परवाने रद्द करपाचो आदेश

ता.5 एप्रिल 2018
15 चैत्र 1940

सर्वोच्च न्यायालयाच्या रस्तो सुरक्षा समितीन रस्त्यावयले अपघात कमी करपाखातीर चड स्पिडीन वाहन चलोवपी, रेड सिग्नल पडले आसतना रस्तो हुपपी, मर्यादिपरस चड म्हालाची येरादारी करपी, म्हाल येरादारी वाहनांनी मनशांक प्रवेश दिवपी, सोरो पिवन वाहन चलोवपी आनी वाहन चलयताना मोबायल फोनाचो वापर करपी वाहन चालकाआड कारवाय करून अशा वाहन चालकांचे वाहन चलोवपाचे परवाने तीन म्हयन्याच्या काळाखातीर रद्द करपाचो आदेश दिला.

ह्या आदेशाप्रमाण गोंय पूलीस येरादारीचे नेम मोडप्यांक चलन दिवपावांगडाच वाहन चलोवपाचे परवाने जप्त करून ते रद्द करपाखातीर संबंदीत पालवी येरादारी संचालकांच्या कार्यालयात धाडून दितात. ते खातीर वाहन चालकांनी आपली वाहनां सुरक्षीत आनी जबाबदारीन येरादारीच्या नेमांक पाळो दिवन चलोवची.